# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गुढी  पाडव्याची परबीं

ता. 18 मार्च 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गुढी पाडव्याच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गुढी पाडव्याच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

गुढी पाडव्याच्या सणान पारंपरीक नव्या वर्साचो आरंभ जाता आनी गुढी पाडवो हो नवी सुरवात, अपेक्षा आनी भरभराटीचे प्रतिक जावन आसा. ह्या सणातल्यान आमच्या देशाचो समृध्द सांस्कृतीक वारसो प्रतित जाता आनी आमकां सलोखो, एकजूट आनी एकवटीत उदरगतीच्या मुल्यांचो उगडास करून दिता.

आमच्या विविधतायेच्या देशांत वेगवेगळ्या प्रदेशांनी हो सण वेगवेगळ्या नावांनी मनयतात. आंध्रप्रदेश आनी तेलंगणात हो सण उगाढी म्हूण , जाल्यार सिंधी समाज छटीचांद म्हूण हो सण मनयतात, जो दीस भगवान झुलेलाल हांचो जल्म दीस आसा. जरी वेगवेगळ्या प्रदेशांनी सणाचे नाव आनी रितीरिवाज वेगवेगळे आसले तरी सणाची भावना तीच आसा. हो सण भारत देशांत खुशालकाय, अपेक्षा, समृध्दी आनी सांस्कृतीक एकजूटीच्या भावनेन मनयतात.

हो शुभ उत्सव सगळ्यां खातीर शांतीकाय, खुशालकाय आनी समृध्दी घेवन येव. गुढी पाडव्याच्या शुभ प्रसंगार हांव परत एक फावट गोंयच्या लोकांक काळजासावन परबीं आनी शुभकामना भेटयता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/193

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.